**स्वयंपूर्ण गोंय 2.0 अंतर्गत मुख्यमंत्र्यांच्या हस्तुकीं विमा सखी येवजणेचो शुभारंभ**

ता. 7 जानेवारी 2025

महिलांचे सक्षमीकरण करून तांकां स्वयंपूर्ण करपाचो सरकारचो यत्न आशिल्ल्याचे मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज स्वयंपूर्ण गोंय 2.0 उपक्रमा खाला विमा सखी येवजणेचो शुभारंभ केले उपरांत उलयतना सांगले. गोंय सरकाराच्या नियोजन, सांख्यिकी आनी मुल्ल्यांकन संचालनालयान जीवनविमा महामंडळाच्या सहकार्यान दरबार हॉल, राजभवन दोनापावला हांगा कार्यक्रमाचे आयोजन केल्ले.

येवजणेच्या नोंदणी मोहिमेत राज्यभरातल्या विविध बचत गटांतल्या सुमार एक हजार महिलांनी सहभाग घेतलो.

सगळ्या खातीर गॅस, सगळ्या खातीर घर, सगळ्या खातीर विमा ही सरकाराची संकल्पना आशिल्ल्याचे मुख्यमंत्र्यांन सांगलें. प्रधानमंत्र्यांच्या फुडल्या गोंय भेटी वेळार सुमार एक हजार विमा सखी करपाचे सरकारचे उद्दिश्ट आशिल्ल्याचे तांणी सांगलें. ग्रामीण उपजीविका अभियानांतर्गत महिला बचत गटांक आपरोजगार सुरू करपाक आनी तांकां अर्थिकदिश्ट्या सक्षम करपा खातीर सरकारा कडल्यान चडांत चड 20 लाख रुपयांचे रीण दितात, हो महिलांच्या हिताखातीर सरकारान सुरू केल्लो आनीक एक उपक्रम आसा. महिलांनी आपलो फुडार सुरक्षित करपा खातीर अशा येवजणांचो लाव घेवन सरकाराच्या स्वयंपूर्ण गोंय अभियानाचो उद्देश पुराय करपाक मजत करची, अशेंय तांणी सांगलें.

एलआयसी गोंय विभागाच्यो वरिश्ठ विभागीय वेवस्थापक श्रीमती संगीता परब हांणी आपल्या भाशणात केंद्र सरकारान महिलांच्या हिताखातीर सुरू केल्ली ही येवजण आशिल्ल्याचे सांगलें. भारतीय जीवनविमा म्हामंडळाकडेन विमा एजंट म्हणून नोंदणी करप हे ह्या येवजणेचे उद्दिष्ट आसू जे वरवीं महिला आपली उपजीविकेचे साधन निर्माण करपाक शकता. एजंट म्हणून पूर्णवेळ वा अर्धवेळ काम करपाक शकतात. पयल्या वर्सा दर म्हयन्याक 7000 रूपया आनी 6000 रूपया स्टायपेंड मेळोवपाक शकतात. महिला एजंट म्हूण योग्यतेनुसार स्वतंत्रपणान काम करपाक शकतात आनी अर्थिक बाबतीत सक्षम जावपाक शकतात, अशें सांगून तांणी महिलांक आपल्या लागीच्या एलआयसी कार्यालयांत नोंदणी करपाचे आवाहन केले.

दक्षीण गोंय ग्रामीण उदरगत एजन्सीच्यो संचालक श्रीमती दिपाली नाईक, नियोजन, सांख्यिकी आनी मुल्ल्यांकन संचालनालयाचे संचालक श्री विजय सक्सेना आनी हेर अधिकारी कार्यक्रमाक उपस्थित आशिल्लें. उत्तर गोंय डीआरडीए संचालक श्री गोपाळ पार्सेकर हांणी निमाणे उपकार मानले.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/30

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.